# भारत आंतरराष्ट्रीय विज्ञान महोत्सवाचो समारोप

ता. 14 डिसेंबर २०२१

भारत हो एकमेव देश आसा, जंय शास्त्रज्ञांचो छळ जाल्लो ना वा तांचेर बंदी घातिल्ली ना, अशें  गोंयचे राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी चार दिसांच्या भारत आंतरराष्ट्रीय विज्ञान महोत्सव २०२१ च्या समारोप कार्यक्रमात उलयताना म्हणलें.

कांपाल परेड मैदानाचेर  विज्ञान भारतीन विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालय, भारत सरकार, विज्ञान आनी गोंय सरकार आनी NCPOR हांच्या  सहकार्यान महोत्सवाचे आयोजन केल्ले.

राज्यपालान फुडें  उलयतना म्हणले, भारत देशाक विज्ञानाची परंपरा आसा. देशांत बऱ्या विचारांक प्रोत्साहन दिवपाची  परंपरा आसा. आमच्या देशांत अनेक धर्म कार्यरत आसात. आमच्या शिक्षण पद्धतीचेर लॉर्ड मॅकॉलच्या भूतकाळातल्या वसाहतवादाचो प्रभाव आसा. विज्ञान भारती लोकांमदी विज्ञान आनी वैज्ञानिक विचारांचो प्रसार करपाचो प्रयत्न करता. लोकांचो आस्पाव आशिल्लो अशा तरेचो व्हड कार्यक्रम आयोजीत केल्याबद्दल तांणी आयोजकांचे उपकार मानले.

मुख्य सचिव श्री परिमल राय हांणी आपल्या भाशणात म्हणलें,  विज्ञान म्हळ्यार प्रश्न विचारप, समजून घेवपाचो प्रयत्न करप. झाडाची योग्य वाड जावपा खातीर ते बरे तरेन रुजपाक जाय. विज्ञान म्हळ्यार प्रश्न आनी ती वाडीची प्रक्रिया आसा. लोकांमदी वैज्ञानिक वृत्ती निर्माण करपाखातीर प्रयत्न करपाची गरज आसा. अशा महोत्सवाच्या आयोजनातल्यान ग्रामीण वांठारांतल्या लोकांक भारतीय शास्त्रज्ञांनी विज्ञानाच्या मळार केल्ल्या प्रगतीचे साक्षीदार जावपाची संद मेळटा, अशेंय तांणी  म्हणलें.

श्री जयंत सहस्त्रबुद्धे हांणीय ह्या वेळार आपले विचार मांडलें.

केंद्रीय सचिव डॉ रवी चंद्रन; गोंय सरकाराच्या विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खात्याचे सचीव डॉ. तारिक थॉमस,  सीएसआयआरचे सचिव डॉ. शेखर मांडे कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

भूंयविज्ञान विभागाचे जोड सचीव डॉ. इंदिरा मूर्ती हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. जाल्यार  गोंय विद्या भारतीचे अध्यक्ष डॉ. सुहास गोडसे हांणी उपकार मानलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1040

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji